प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी फ्रेंच राष्ट्रपती इमान्युएल मॅक्रॉन हांणी भारत-फ्रांस रणनिती भागीदारीच्या सगळ्या आंगां विशीं चर्चा केली आनी संरक्षण, नागरी अणुऊर्जा आनी अंतरिक्ष ह्या रणनितीच्या मळार सहकार्याचो नियाळ घेतलो. काल जाल्ले द्विपक्षीय उलोवणेंत दोनूय फुडाऱ्यांनी भारत-फ्रांस रणनिती भागीदारी विशीं आपली खर वचनबद्धताय परतून दाखयली. द्विपक्षीय संबंदांच्या पुराय वर्णपटाचेर आनी मुखेल जागतीक आनी प्रादेशिक प्रस्नांचेर तांणी चर्चा केली. मार्सेलांत पावले उपरांत प्रतिनिधी मंडळ पातळेचेर चर्चा जाली.

तंत्रगिन्यान आनी नवनिर्माणाच्या मळार सहकार घटमूट करपाचे मार्गय दोगांय फुडाऱ्यांनी चर्चा केली. हालींच सोंपिल्ल्या एआय ऍक्शन समिट आनी 2026 वर्सा येवपी भारत-फ्रांस नवनिर्माण वर्साच्या संदर्भांत भागीदारीचो हो वाठार आनीकय म्हत्वाचो जाता. वेपार आनी गुंतवणूक संबंद वाडोवपाचो उलो फुडाऱ्यांनी केलो आनी हे संबंदी 14व्या भारत-फ्रांस सीईओ मंचाच्या अहवालाक येवकार दिलो.

भलायकी, संस्कृताय, पर्यटन, शिक्षण आनी लोकां मदल्या संबंदाच्या मळार चालू आशिल्ल्या सहकार्याचेर प्रधानमंत्री आनी राष्ट्रपती मॅक्रॉन हांणी समाधान उक्तायलें. भारत-पॅसिफिक आनी जागतीक मंच आनी उपक्रमांनी वांटो आनीक घटमूट करपाची तांणी आपली वचनबद्धताय उक्तायली.

**संत रविदास जयंती**

संत रविदास हांचो आयज जल्मदीस. देखून संत रविदास जयंती आयज देशभर मनयतात. संत रविदास ही चवदाव्या शेंकड्यांतले संत आनी उत्तर भारतांतल्या भक्ति चळवळीचे संस्थापक. माघ पूर्णिमे दिसा संत रविदास जयंती मनयतात.

राष्ट्रपति द्रौपदी मुर्मू हांणी ह्या निमतान लोकांक परबी दिल्या .गुरू संत रविदास जी ही एक व्हड संत आशिल्ले , जांणी आपल्या बरोवपातल्यान सगळ्यांक एकचार आनी एकवाटाचो संदेश दिला अशे राष्ट्रपति द्रौपदी मुरमू हाणी आपल्या संदेशांत म्हळा.

**IMD WEATHER**

आयज अरुणाचल प्रदेशांतल्या वाठारांनी पावस वा बर्फ पडपाचो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला. अरुणाचल प्रदेश, आसाम आनी मेघालयाच्या कांय वाठारांनी आयज गडगड आनी जोगला संयत उटंगाराचो पावस पडूं येता अशेंय भारतीय हवामान खात्यान सांगलां. अस्तंत बंगाल वाठारात आयज दाट धुक्याची परिस्थिती आसापांची शक्यताय आसा अशे भारतीय हवामान खत्यान सांगला. हिमाचल प्रदेशांतल्या कांय सुवातींनी थंड ल्हारां आसपाची खूब शक्यताय आसा असो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला. फुडल्या 2 दिसांन देशाच्या अस्तंत उत्तर भागांतले उण्यांत उणें तापमान 2 डिग्री सेल्सियसानी ल्हव ल्हव देंवपाची शक्यताय आसा असोय भारतीय हवामान खात्याचो अदमास आसा.

**राजीव रंजन सिंग**

नुस्तेमारी मंत्री राजीव रंजन सिंगान आयज नवी दिल्लींत 14व्या आशियाई नुस्तेमारी आनी जलसंवर्धन मंचाचें उक्तावण केलें. कार्यावळीक संबोधन करतना श्री. ह्या मंचाक लागून नुस्तेमारी क्षेत्रांतल्या भागधारकांक एकठांय येवन जबाबदार उपाय सोदून काडपाक एक मंच मेळटलो अशें सिंगान सांगलें. पर्यावरण आनी दर्याची राखण लक्षांत दवरून नुस्तेमारी कशी मुखार व्हरूं येता हाचेर एक नकासो तयार करपाक ही परिशद मदत करूंक शकता अशें तांणी सांगलें. 14व्या एएफएएफांत नुस्तेमारी आनी जलसंवर्धन क्षेत्रांतले मुखेल खेळगडे एकठांय हाडटात आनी तातूंत संशोधक, धोरण निर्माते, उद्देग फुडारी आनी भागधारक सयत 14 देशांतल्या सुमार 900 प्रतिनिधींचो वांटो आसतलो. 2007 वर्सा कोचींत जाल्ल्या आठव्या एएफएएफ उपरांत ही प्रतिश्ठीत कार्यावळ भारतांत जावपाची ही दुसरी खेपेची गजाल.

मालदीव लोक मजलीसचे अब्दुल रहीम अब्दुल्ला हांच्या फुडारपणा खाला मालदीवच्या संसदीय शिश्टमंडळान आयज नवी दिल्लींत उपराष्ट्रपती जगदीप धनखराक भेट घेतली. हे भेटी वेळार भारत आनी मालदीव हांचे मदल्या द्विपक्षीय संबंदांच्या वेगवेगळ्या आंगांचेर चर्चा जाली. संसदीय आदान-प्रदान आनी दोनूय देशां मदीं लोकां मदीं संपर्क करपा विशींय दोनूय वटांनी चर्चा केली.

**मंत्री सर्वानंद सोनोवाल**

2029 मेरेन भारत संवसारांतली तिसरी व्हडली अर्थवेवस्था जातली अशें बंदर, जहाज येरादारी आनी उदकामार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हांणी आयज सांगलें.

अगरतला हांगा केंद्रीय अर्थसंकल्प 2025-26 विशीं पत्रकार परिशदेंत उलयतना श्री. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाल सरकारान आपणायिल्ल्या धोरणां आनी कार्यावळींक लागून देशांतल्या लोकांची समाजीक-आर्थीक स्थिती सुदारल्या अशें सोनोवाल हांणी सांगलें.

बऱ्या प्रशासनाक लागून लोकांक स्वाभिमानान जगपाक मेळ्ळां अशें तांणी सांगलें.